# <u>सहकार सप्तकाची कार्यावळ</u>

ता. 13 नोव्हेंबर 2020

सहकार खात्यावतीन 14 ते 20 नोव्हेंबर 2020 मेरेन सहकार सप्तक मनोवपात येतलो. सहकार सप्तकानिमतान खात्यान राज्यांत साबार कडेन सहकार संस्थांच्या सहकार्यान कार्यक्रमांचे आयोजन केला. फाल्या ता. 14 नोव्हेंबर 2020 दिसा सकाळी 11.00 वरांचेर सहकार भवन, कुर्टी फोंडे हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं सहकार सप्तकाचे उक्तावण जातले. सहकार मंत्री श्री. गोविंद गावडे, आमदार श्री. रवी नाईक, फोंडेचे नगराध्यक्ष श्री. विश्वनाथ दळवी, कुर्टी-खांडेपार ग्रामपंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती श्रावणी गावडे, सहकार सचीव श्री. चोखाराम गर्ग आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक हजर रावतले. कार्यक्रमाचे मुखेल उलोवपी जीव्हीएम कर्मचारी क्रेडीट कॉ-ऑपरेटीव्ह सोसायटीचे अध्यक्ष श्री. दत्तात्रय नाईक हे "कोवीड-19 उपरांत सहकार क्षेत्राची भुमिका आनी जबाबदारी" ह्या विशयाचेर भाशण करतले.

ता. 15 नोव्हेंबर 2020 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर करमळी ग्रामपंचायत सभाघर, करमळी-खोर्ली, ता. 16 नोव्हेंबर 2020 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर म्हापशें अर्बन कॉ-ऑपरेटीव्ह बँक सभाघर, नंदादिप बिल्डिंग, म्हापशें, ता. 17 नोव्हेंबर 2020 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांचेर फोमैंतो एम्फिथेटर, गोमंत विद्यानिकेतन, मडगांव, ता. 18 नोव्हेंबर 2020 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर आदर्श कृशी सहकारी खरेदी विक्री प्रक्रिया संस्था मर्यादीत, बाळ्ळी केपे, ता. 19 नोव्हेंबर 2020 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर रविंद्र भवन, साखळी हांगा सहकार सप्तक कार्यक्रम जातलो आनी ता. 20 नोव्हेंबर 2020 दिसा सांजेच्या 3.00 वरांचेर सहकार भवन, कुर्टी फोंडे हांगा सप्तकाचो समारोप कार्यक्रम जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/683